# 25वो गोवा युवा महोत्सव 2020

17, 18 आनी 19 जानेवारी 2020

कोंकणी भाशा मंडळ
स्थापना १९६२


RAVINDRA BHAVAN
MARGAO
रवींद्र भवन मडगांव

आयोजक:
कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

जोडपालव:
रवींद्र भवन, मडगांव

थळ: रवींद्र भवन, मडगांव

रौप्य महोत्सव




Follow us on: www.facebook.com/KonkaniBhashaMandal | www.instagram.com/konkani_bhasha_mandal |
www.youtube.com/konkanibhashamandal | https://twitter.com/konkanibhasham

# महोत्सवांतल्यो साबार सर्ती

**फकत शिक्षणीक संस्थां खातीर आशिल्ल्यो सर्ती**

(फोन नं. 9923932634 / 7020873370)

## नमन (मिरवणूक)

- गोवा युवा महोत्सवांत वांटेकार पंगडांची लोकजागृताये खातीर मिरवणूक.
- **विशय: गोवा युवा महोत्सवाचीं 25 वर्सां.**
- घोशणा आनी फलक हांचो आसपाव गरजेचो.
- पंगडांत उण्यांत उणे 10 आनी चडांत चड 60 सर्तक आसचे पडटले.
- सर्ती दिसा सकाळीं 9.15 वरां मेरेन नोंदणी केल्ल्या पंगडांकूच सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलो. सर्त सारकी 9.45 वरांर सुरू जातली.
- 9.30 वरां मेरेन पंगडाचे नमन सर्तींत वांटो घेवपी सगले तरणाटे सर्तीचे सुवातीर हजर आसल्यारूच पंगडाक नमन सर्तींत वांटेकार जावंक मेळटलें.
- सर्तीचे परिक्षक रवींद्र भवनाच्या प्रवेश दारा लागीं आसतले.
- मिरवणुकींत चित्ररथ वापरूंक मनाय आसतली.
- सर्तीचें परिक्षण पारंपारीकताय आनी पारंपारीक सामग्री, वाजप आनी नाच, भेस, शिस्त आनी पंगडांतलो जोश ह्या निकशांचेर जातलें.

## गीत गायतना

- वेळ: 5 मिणटां.
- गीत / कांतार एकल्यान गावपाचें.
- वाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- गीत / कांतार कोंकणीच आसूंक जाय.
- दर एके संस्थेचो एकच सर्तक आसतलो.
- सर्ती खातीर 18 जानेवारीक सकाळीं 9.30 वरांचेर सर्तीचे सुवातीर चांचणी फेरी जातली. ही चांचणी फेरी सक्तीची आसतली.
- सर्तकान तीन गितां / कांतारां तयार करून येवप गरजेचें. एकूच गीत चड सर्तकांनी वेंचिल्लें आसल्यार परिक्षकान सांगिल्लें दुसरें गीत म्हणचें पडटलें.
- चांचणी फेरयेंत वेंचिल्ल्या 12 ते 15 सर्तकांची वळेरी चांचणेच्या उपरांत जाहीर जातली. वेंचिल्ल्याकूच ते दिसा मुखेल सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलें.
- सर्तीचें परिक्षण सूर, ताल, लय, गिताची / कांताराची निवड, परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

## धीक थै (गोंयच्या पारंपारीक वाद्यांची जुगलबंदी)

- वेळ: 4 ते 7 मिणटां. (मायक लावपाक आनी सॅट–अप करपाक घेतिल्लो वेळ ह्या वेळ मर्यादेंत आसपावता)
- गोंयचीं पारंपारीक वाद्यां वापरूंक मेळटलीं. इलॅक्ट्रॉनीक वाद्यां हातूंत आसपावनात.
- उण्यांत उणे 3 आनी चडांत चड 8 सर्तकांनी वांटो घेवंक जाय.
- सर्ती खातीर फकत 5 मायक दितले. ताच्या वयर मायक वापरूंक मेळचे नात. सर्तकांक स्वताचे मायक वापरूंक मनाय आसतली.
- सर्तीचें परिक्षण ताल, लय, वाद्यांचो सुमेळ, सर्जनशीलताय आनी सादरीकरण ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

## लोकमांड (गोंयचे पारंपारीक लोकनाच)

- वेळ: 5 ते 7 मिणटां.
- सर्तींत उण्यांत उणे 8 आनी चडांत चड 25 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- नाच गोंयचोच लोकनाच आसूंक जाय.
- नाचाक गरजेचीं पारंपारीक वाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- रेकॉर्डेड पदां वापरूंक मेळचीं नात.
- खेरीत दादल्यांचे वा खेरीत बायलांचे लोक प्रकार कोणाकूय (दादल्यांक वा बायलांक) सादर करूंक मेळटले.
- सर्तीचें परिक्षण भेस, वाद्य, पदन्यास, पारंपारीकताय आनी परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

## थोडें आमचें थोडें तुमचें

- वेळ: 7 ते 12 मिणटां (सॅट लावपाक घेतिल्लो वेळ ह्या वेळ मर्यादेंत आसपावता)
- उण्यांत उणे 5 आनी चडांत चड 10 सर्तकांक माचयेर वावरूंक मेळटलें.
- वस्ती (प्रॉपर्टी), मुस्तायकी वापरपाक मेळटली.
- कसलेंय संगीत वापरूंक मेकळीक आसतली. मात ते खातीर वेगळो कॉर्ड वा मायक मेळचो ना.
- सर्तीचें परिक्षण कल्पकताय, समन्वय, अभिनय, कथानकाचें सादरीकरण आनी सुसुत्रताय ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.
- सकयल दिल्लें खंयचेंय एक कथानक आपले कल्पकतायेन वाडोवन नाट्य रुपांत सादर करचें पडटलें.
- सर्ती खातीर कथानकां:
    1. **एके कार्यावळीची नेटान तयारी चल्ल्या. तरणाटे तयारेंत मग्न आसात. इतल्यांत थंय शणै गोंयबाब तरणाट्यांच्या मुखार प्रकट जाता... फुडें कितें?**
    2. **पूत शाळेंत सारको शिकना म्हूण शाळेंतल्यान आतऱ्या-पयऱ्यान शिक्षकांच्यो कागाळी. आवय-बापायक मनस्ताप. कांय तेंपान आपलो पूत हेरां भशेन ना हाची सुलूस पालकांक लागता... फुडें कितें?**
    3. **खरें जग आभासी संवसारांत (वर्च्युअल वर्ल्डांत) बदलता... फुडें कितें?**



# महोत्सवांतल्यो साबार सर्ती

**फकत पंगडां खातीर आशिल्ल्यो सर्ती**

(फोन नं. 9923633789 / 9922749193)

## नमन (मिरवणूक)

- गोवा युवा महोत्सवांत वांटेकार पंगडांची लोकजागृताये खातीर मिरवणूक.
- **विशय: गोवा युवा महोत्सवाचीं 25 वर्सां.**
- घोशणा आनी फलक हांचो आसपाव गरजेचो.
- पंगडांत उण्यांत उणे 10 आनी चडांत चड 60 सर्तक आसचे पडटले.
- सर्ती दिसा सकाळीं 9.15 वरां मेरेन नोंदणी केल्ल्या पंगडांकूच सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलो. सर्त सारकी 9.45 वरांर सुरू जातली.
- 9.30 वरां मेरेन पंगडाचे नमन सर्तींत वांटो घेवपी सगले तरणाटे सर्तीचे सुवातीर हजर आसल्यारूच पंगडाक नमन सर्तींत वांटेकार जावंक मेळटलें.
- सर्तीचे परिक्षक रवींद्र भवनाच्या प्रवेश दारा लागीं आसतले.
- मिरवणुकींत चित्ररथ वापरूंक मनाय आसतली.
- सर्तीचें परिक्षण पारंपारीकताय आनी पारंपारीक सामग्री, वाजप आनी नाच, भेस, शिस्त आनी पंगडांतलो जोश ह्या निकशांचेर जातलें.

## खेळ (रस्तो नाट्य)

- वेळ: 8 ते 10 मिणटां.
- सर्तींत उण्यांत उणे 5 आनी चडांत चड 25 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- सर्ती खातीर मायकाची वेवस्था आसची ना.
- गरजेचीं तालवाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- खेळ उकते सुवातीर जातलो.
- सर्तीचें परिक्षण विशयाची मांडणी, नाट्य, अभिनय, समन्वय आनी परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

- विशय–

1. **राजकारण्यांचें तळयांत मळयांत**
2. **(गोंय) – (भायले) = ?**
3. **ते पाव गेले, ते उंडे गेले, ते पोदेर गेले...**

## आयलें तशें गायलें (ट्रियो)

- वेळ: 5 मिणटां.
- तियात्रांनी जशीं ट्रियो पद्धतीचीं पारंपारीक गायनां आसतात तशें आसूंक जाय.
- हातूंत 3 गायक कलाकार आसप गरजेचें.
- वाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतलीं.
- सर्ती खातीर 19 जानेवारीक सकाळीं 9.30 वरांचेर चांचणी फेरी आसतली. ही फेरी सक्तीची आसतली. चांचणी फेरयेंत वेंचिल्ल्या 12 ते 15 सर्तकांची वळेरी जाहीर जातली. तांकांच मुखेल सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलें.
- चांचणेंत गायिल्लें गीत आनी वांटेकार जाल्ले सर्तक मुखेल सर्तींत बदलूंक मेळचे नात.
- सर्तीचें परिक्षण विशयाची निवड, सूर, ताल, अभिनय आनी सामुहीक आविश्कार ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

## खातखुतल्यो (स्टॅण्ड अप कॉमेडी)

- वेळ: 3 ते 5 मिणटां.
- दर एका पंगडांतल्यान एकाच सर्तकाक वांटो घेवंक मेळटलो.
- सर्तकान कोंकणींतल्यान उलोवंक जाय.
- सादरीकरणाचें स्वरूप मार्मीक, विनोदी आनी उपहासात्मक (Satire) शैलीचें आसूंक जाय.
- सादरीकरणांत वस्तुस्थितीचें पडबिंब दिसचें.
- सर्ती खातीर विशयाचें आनी भेसाचें कसलेंच बंधन ना.
- सर्तीचें परिक्षण कल्पकताय, मार्मीकताय, विनोद, वस्तुस्थितीचें पडबिंब आनी सादरीकरण ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

## लोकमांड (गोंयचे पारंपारीक लोकनाच)

- वेळ: 5 ते 7 मिणटां.
- सर्तींत उण्यांत उणे 8 आनी चडांत चड 25 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- नाच गोंयचोच लोकनाच आसूंक जाय.
- नाचाक गरजेचीं पारंपारीक वाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- रेकॉर्डेड पदां वापरूंक मेळची नात.
- खेरीत दादल्यांचे वा खेरीत बायलांचे लोक प्रकार कोणाकूय (दादल्यांक वा बायलांक) सादर करूंक मेळटले.
- सर्तीचें परिक्षण भेस, वाद्य, पदन्यास, पारंपारीकताय आनी परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.



# महोत्सवांतल्यो साबार सर्ती

## शिक्षणीक संस्था आनी पंगडां खातीर सर्ती

(फोन नं. 9823105373 / 9307360824)

### नाच नाच नाचुया

- कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय प्रकाशीत शाणी मस्ती, शाणी मस्ती 2, शाणी मस्ती 3, शाणी मस्ती 4, शाणी मस्ती 5, शाणी मस्ती 6, नमस्कार भारता आनी 16 जानेरा ह्या सिडींतल्या खंयच्याय एकाच गिताचेर नाच सादर करचो पडटलो.
- सर्तींत उण्यांत उणे 6 आनी चडांत चड 12 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- गोवा युवा महोत्सवाच्या पंगड आनी शिक्षणीक संस्थां खातीर जावपी कार्यशाळेंत गितांचो ड्रॉ काडटले. दोन गितांचो पर्याय मेळटलो. दर एका सर्तकान आपले कल्पकतायेन एका गिताचेर नाच सादर करचो पडटलो.
- कार्यशाळेंत वांटेकार जावपी पंगडांक आनी शिक्षणीक संस्थांकूच सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलो.
- प्रकट गीत म्हणूंक वा वाद्यां वापरूंक मेळचीं नात.
- नाचा खातीर गीत कापूंक वा एडीट करूंक मेळचें ना.
- सर्तीचें परिक्षण नृत्य सादरीकरण, समन्वय, मुस्तायकी, पदन्यास आनी सर्जनशीलताय ह्या निकशांचेर जातलें.

### रंगीत खोमीस

- वेळ: 2 वरां.
- सर्तींत दर एके शिक्षणीक संस्थेंतल्यान / पंगडांतल्यान 2 सर्तकांनी वांटो घेवंक जाय.
- आयोजक फकत धव्या रंगाचें एक्सएल (XL) आकाराचें एक टी–शर्ट (रावंड नॅक) दितलें. हेर साहित्य सर्तकांक हाडचें पडटलें.
- टी–शर्ट रंगोवंक फकत एक्रॅलीक पेण्ट वापरूंक मेळटलो.
- टी–शर्टाच्या फकत फुडल्या भागाचेर कोंकणींतल्यान एक मार्मीक वाक्य आनी चित्र आसूंक जाय.
- आयचे तरणाटे पिळगेचे विचारसरणीक अनुसरून वाक्य आनी चित्रां अपेक्षीत आसात.
- टी–शर्टाचेर चित्रां चिकटावंक मेळचीं नात.
- सर्ती खातीर तयार केल्लीं हीं टी–शर्टां उपरांत आयोजक पावणेर काडटले.
- सर्तीचें परिक्षण संकल्पना, मार्मीकताय, सर्जनशीलताय, रंगसंगत आनी रचणूक (composition) ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

### फास्की (पेण्टींग)

- वेळ: 4 वरां.
- सर्तींत उण्यांत उणे 3 आनी चडांत चड 5 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- आयोजक फकत कॅन्वास (90 cm x 60 cm) दितले. हेर साहित्य सर्तकांक हाडचें पडटलें.
- फकत रंगांच्या आदारान चित्रांच्या माध्यमांतल्यान तुमकां जाय तो विशय कॅन्वासाचेर मांडचो पडटलो. कॅन्वासाचेर उतरांनी संदेश आसपाक जायना.
- कॅन्वासाचेर कसलींच चित्रां चिकटावंक मेळचीं नात.
- सर्ती खातीर तयार केल्ल्यो ह्यो फास्क्यो उपरांत आयोजक पावणेर काडटले.
- सर्तीचें परिक्षण रंग, रेशा, पोत (texture), संकल्पना आनी सुवातीचो वापर ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

### रटावळी

- वेळ: 3 वरां.
- सर्तींत दर एके संस्थेचो/पंगडाचो चार जाणांचो गट आसतलो.
- सर्तकांक एक चार्ट पेपर आनी कांय रंगीत पेपर दितले. हेर सामुग्री (पेनां, गोंद [gum], रंग सारखी) सर्तकांक हाडची पडटली.
- चार्ट पेपराचेर आयोजक दितात ते कागद सोडून हेर कांयच चिकटावंक मेळचें ना.
- चार्ट पेपराक खबरापत्राच्या स्वरुपांत तयार करचें पडटलें. तातूंत खबरापत्राचें नांव, माथाळो, तारीख, मुखेल खबर, बातमी आदी सारखो मजकूर आसूंक जाय.
- खबरो हस्तलिखीत आसूंक जाय. चित्रां वा व्यंगचित्रां हातान काडचीं पडटलीं.
- 25व्या गोवा युवा महोत्सवाच्या 17 आनी 18 जानेवारी ह्या दोन दिसांच्या घडामोडींचेर आदारीत हें खबरापत्र आसचें पडटलें.
- खबरापत्राचेर वट्ट आठ कॉलम आसूंक जाय. दावे वटेन एक संपादकीय आसूंक जाय. महोत्सवांत घेतिल्ल्या मुलाखतीचे बातमेचो खबरापत्रांत आसपाव आसप सक्तीचो. (ही मुलाखत 18 जानेवारीक महोत्सवाचे पयले माचयेर सांजेच्या 3.00 वरांचेर जातली.)
- सर्तीचें परिक्षण कल्पकताय, सर्जनशीलताय, मजकूर, मांडावळ आनी परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

### शुटींग

- कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय प्रकाशीत शाणी मस्ती, शाणी मस्ती 2, शाणी मस्ती 3, शाणी मस्ती 4, शाणी मस्ती 5, शाणी मस्ती 6, नमस्कार भारता आनी 16 जानेरा ह्या सिडींतल्या खंयच्याय एकाच गिताचेर व्हिडिओ तयार करचो पडटलो.
- गोवा युवा महोत्सवाच्या पंगड आनी शिक्षणीक संस्थां खातीर जावपी कार्यशाळेंत गितांचो ड्रॉ काडटले. सर्तकाक दोन गितांचो पर्याय मेळटलो. दर एका सर्तकान आपल्या कल्पकतायेन एका गिताचेर एक व्हिडिओ तयार करचो पडटलो.
- कार्यशाळेंत वांटेकार जाल्यारूच ह्या सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलो.
- व्हिडिओ MPEG फॉर्मेटांत 720P वा चड पिक्सेलांत आसचो.
- व्हिडिओ खातीर गीत कापूंक वा एडीट करूंक मेळचें ना.
- व्हिडिओ, नाचाचो व्हिडिओ आसचो न्हय, गिताच्या संकल्पनेचेर आदारीत आसचो.
- सर्तकान आपलो व्हिडिओ फायलीक आपल्या पंगडाचें नांव घालून ती डिव्हिडींत वा पॅन ड्रायवांत घालून सर्तीच्या पयल्या दिसा (17 जानेवारी 2019) सकाळीं 9.30 वरां मेरेन येवकार कक्षांत दिवची पडटली. पॅन ड्रायव निकाला उपरांत परत व्हरचे पडटले.
- सर्तीचें परिक्षण संकल्पना, चित्रीकरणाचें तंत्र, कल्पकताय, नाविन्य आनी गिताची हाताळणी ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

### प्रस्नमाची

- दर एके संस्थेचो / पंगडाचो दोग जाणांचो गट आसतलो.
- गोंयां संबंदीत सामाजीक, शिक्षणीक, संस्कृतीक, अर्थीक अश्या विशयांचेर प्रस्न आसतले.
- सर्तींत फाटल्या 24 गोवा युवा महोत्सवां संबंदान खाशेली फेरी आसतली.
- सर्तीच्या दिसा लेखी परिक्षा आसतली.

## मुस्तायकी (देशी पारंपारीक भेस) ▲

- दर एके संस्थे / पंगडा वतीन एक देशी पारंपारीक भेसांतलें जोडपें (दादलो आनी बायल) सर्तीत वांटो घेतलें.
- सर्ती खातीर 19 जानेवारीक दनपरां 12.00 वरांचेर चांचणी फेरी आसतली. ही फेरी सक्तीची आसतली. चांचणी फेरयेंत चडांत चड 24 शिक्षणीक संस्था / पंगड फुडले फेरये खातीर वेंचून काडटले.
- पयल्या फेरयेंत जोडप्यांक स्वताची वळख दिवपाक अर्द मिनीट मेळटलें. ही वळख आपणे भेस केल्या पात्रांक अनुसरून आसची. आनी उखाणे वापरिनासतना स्वताची वळख स्वताच करची.
- दुसरे फेरयेंत 12 जोडपीं पावतलीं. ह्या फेरयेंत, सर्तकांक चिटयो काडून एक शब्द दितले. वेंचून काडिल्ल्या शब्दाचेर ताणें 1 मिणटा भितर उलोवचें पडटलें. जोडयेंतल्या एकट्या कोणेंय उलोवचें पडटलें.
- निमण्या फेरयेंत 6 जोडप्यांक समाजकारण, संस्कृताय, कला, खेळ आनी हेर विशयांचेर चिटयो काडून विशय दितले. जोडप्याक ह्या विशयाचेर आपलें मत मांडचें पडटलें. परिक्षक आपल्याक जाय तेन्ना एका जोडयेंतल्या एका सर्तकाक मदींच थांबोवन दुसऱ्याक उलोवंक सांगूंक शकतले. परिक्षक, गरज दिसल्यार, ते जोडयेंतल्या कोणाकूय आपल्याक जाय ते प्रस्न विचारतले.
- सर्तीचे पयले फेरयेचें परिक्षण करतना पारंपारीकता, भेस, सादरीकरण ह्यो गजाली मतींत धरतले. दुसरे आनी तिसरे फेरयेंत चातूर्य आनी वैचारीक प्रकटणाचेर परिक्षण जातलें.

# म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो आनी नेम

**युवा महोत्सवाची लोकप्रियताय आनी गोंयभरच्या तरणाट्यांचो मेळपी उत्स्फूर्त तेंको दिसान दीस वाडत आसा. वाडपी आटाप मतींत धरून आमी सुचोवंक सोदतात :**

- सर्तक पंगडांनी / शिक्षणीक संस्थांनी युवा महोत्सवांत वांटो घेवपा संबंदीच्यो आपल्यो प्रवेशिका 29 डिसेंबर 2019 दिसा रातच्या 12 मेरेन www.konkanibhashamandal.com ह्या संकेतथळा वेल्यान ऑनलायन फॉर्मा वरवीं धाडूंक जाय. 30 डिसेंबर, रातचे 12 मेरेन प्रवेशिका धाडपी सर्तकांचे 5 गूण उणे जातले आनी 31 डिसेंबर, रातचे 12 मेरेन प्रवेशिका धाडपी सर्तकांचे 10 गूण उणे जातले. उपरांत प्रवेशिका स्विकारचे नात. प्रवेशिकेंत खंयच्या सर्तींनी वांटो घेतले तें कळोवंक जाय.
- पंगडांक तशेंच शिक्षणीक संस्था खातीर राबितो आसचो ना.
- ▲ ही कुरू आशिल्ले सर्तीक (शिक्षणीक संस्था आनी पंगड ह्या दोगांय खातीर आशिल्ल्यो सर्ती) पयल्या, दुसऱ्या, तिसऱ्या, चवथ्या आनी पांचव्या क्रमांकाक दर एकी 50, 40, 30, 20 आनी 10 गूण मेळटले.
- 🔴 ही कुरू आशिल्ले सर्तीक (फकत शिक्षणीक संस्था वा पंगडा खातीर आशिल्ल्यो सर्ती) पयल्या, दुसऱ्या आनी तिसऱ्या क्रमांकाक दर एकी 50, 40 आनी 30 गूण मेळटले. अश्या वट्ट गुणांच्या आदारान उत्कृश्ट पंगडाची निवड करतले.
- एके शिक्षणीक संस्थेंत / पंगडांत उण्याच धा सर्तकांचो आसपाव आसूंक जाय. तेच प्रमाण तांणी उण्याच पांच सर्तींनी वांटो घेवंक जाय.
- शिक्षणीक संस्थां भितर विद्यार्थी सोडून हेरांक प्रत्यक्ष वांटेकार जावंक मेळचें ना. गरज पडल्यार आयोजकांक विद्यार्थ्यांचें वळख पत्र मागपाचो अधिकार आसतलो.
- नेमांत फावो ते बदल करपाचो अधिकार आयोजकांनी राखून दवरला.
- कसलेय अदीक म्हायती खातीर आयोजकां कडेन संपर्क सादूं येता.
- परिक्षकांचो निर्णय निमणो आसतलो.
- परिक्षकांच्या खंयच्याय निर्णयाचेर जर सर्तकांनी गरजे भायर आक्षेप घेतलो जाल्यार तो सर्तक पंगड वा शिक्षणीक संस्था गोवा युवा महोत्सवांतल्या हेर सर्तींत वांटेकार जावपाक अपात्र थारतलो / थारतली.
- खंयच्याय सर्ती खातीर सर्तक चड आसल्यार चांचणी फेरी घेवपाची मेकळीक आयोजकांक आसतली.
- महोत्सवाच्या माटवांत वा माचयेर जनावरांचो वापर करूंक मेळचो ना.
- खंयच्याच सादरीकरणांत पोजडेपणां वा वयक्तीक टिकेक सुवात आसची ना.
- राजकीय उमेदवार वा राजकीय पक्षाचो प्रचार महोत्सवाच्या माटवांत वा माचयेर करूंक मेळचो ना.
- दर एका सर्तक पंगडाक / शिक्षणीक संस्थेक माटवांत एक धोल आनी दोन ताशे वापरूंक मेळटले. ताचे परस चड धोल आनी ताशे माटवांत भितर व्हरूंक मेळचे नात.
- दरेका सर्तकान वेळाचें बंधन पाळुंकूच जाय.
- पंगडांतल्या वांटेकारांनी पिरायेचीं 35 वर्सां हुपिल्लीं आसचीं न्हय. तशेंच वांटेकार सर्तकांची पिराय 15 वर्सां परस उणी आसची न्हय. गरज पडल्यार आयोजकांक पिरायेचो दाखलो मागपाचो अधिकार आसतलो.
- महोत्सवांतल्यो सर्ती सुरू जावचे पयलीं सर्तक पंगडांच्या / शिक्षणीक संस्थांच्या मुखेल्यांची एक बसका जातली. ही बसका मुखेल्यांक चुकोवंक मेळची ना.
- दर एका सर्तीचो निकाल जाहीर जाले उपरांत अर्द वरा भितर जैतीवंत सर्तक पंगडान / शिक्षणीक संस्थेन आपल्या सर्तकांचीं नांवां येवकार कक्षांत हाडून दिवंक जाय. अर्द वरा भितर नांवां मेळ्ळीं नात जाल्यार त्या जैतीवंत पंगडाक प्रशस्तीपत्रकां मेळटलींच अशें ना.
- सर्तींत वांटेकार जावपी शिक्षणीक संस्थांक आनी पंगडांक आयोजक येरादारी खर्च दिवचे नात.
- सर्तींत उक्तायल्लीं मतां हीं सर्तकांचीं मतां आसतलीं, आयोजक तांच्या मतां कडेन सहमत आसतलेच अशें ना.
- सर्तीचे नेम मोडिल्ले विशीं कसलोय आक्षेप आसत जाल्यार सर्त सोंपले उपरांत 15 मिणटां भितर लिखीत स्वरुपांत आपली कागाळ फावो त्या पुराव्या सयत नोंदणी कक्षांत दिवची पडटली. आयोजक ते संबंदान तुमचे कडेन चर्चा करून फावो ती जाप तुमकां दितले. निकाल जाहीर जाले उपरांत कसल्याच प्रकारची कागाळ आयोजक मानून घेवचे नात. दर एका सर्तीचो निकाल स्वता परिक्षक जाहीर करतात. ते खातीर सर्तीचें गुणपत्रक खंयच्याच पंगडाक आयोजक दाखोवचे नात. परिक्षकांचो आदर राखप हें सर्तक आनी आयोजक म्हणून आमचें कर्तव्य अशें आमी मानतात.

**शेनवार, 7 डिसेंबर 2019 दिसा गोवा युवा महोत्सवा खातीरची कार्यशाळा मडगांवच्या रवींद्र भवनांत सकाळीं 9.30 वरांर जातली. ही कार्यशाळा सगळ्या सर्तक पंगडांच्या आनी शिक्षणीक संस्थांच्या उण्यांत उण्या दोन प्रतिनिधींक सक्तीची आसतली. कार्यशाळे वेळार नाच नाच नाचुया आनी शुटींग सर्ती खातीर पंगडांक आनी शिक्षणीक संस्थांक गितांचो ड्रॉ काडटले. कार्यशाळेक हाजीर रावंक नाशिल्ल्या पंगडांक / संस्थांक ह्या सर्तींनी वांटो घेवंक मेळचो ना. तशेंच महोत्सवांत कसलीच कागाळ करपाचो हक्क आसचो ना.**

# वट्ट इनामां

सर्वोत्कृश्ट शिक्षणीक संस्था / पंगड – पयलें इनाम (वट्ट गुणांचेर आदारून)
रोख रू. 25000/- + यादस्तीक + घोळटो करंड + प्रशस्तीपत्रक

सर्वोत्कृश्ट शिक्षणीक संस्था / पंगड – दुसरें इनाम (वट्ट गुणांचेर आदारून) रोख रू. 20000/- + यादस्तीक + प्रशस्तीपत्रक

पयल्या दोन जैतीवंतांत शिक्षणीक संस्था नासल्यार शिक्षणीक संस्थेक गुणांचेर आदारून खेरीत रोख इनाम रू. 15000/- + यादस्तीक + प्रशस्तीपत्रक दितले.

फकत शिक्षणीक संस्थां खातीर वा फकत पंगडां खातीर आशिल्ल्या दरे एके सर्ती खातीर
पयलें इनाम रोख रू. 3000/- + प्रशस्तीपत्रकां
दुसरें इनाम रोख रू. 2500/- + प्रशस्तीपत्रकां
तिसरें इनाम रोख रू. 2000/- + प्रशस्तीपत्रकां

शिक्षणीक संस्था आनी पंगड ह्या दोगांय खातीर आशिल्ले दरे एके सर्ती खातीर
पयलें इनाम रोख रू. 3000/- + प्रशस्तीपत्रकां
दुसरें इनाम रोख रू. 2500/- + प्रशस्तीपत्रकां
तिसरें इनाम रोख रू. 2000/- + प्रशस्तीपत्रकां
चवथें इनाम रोख रू. 1500/- + प्रशस्तीपत्रकां
पांचवें इनाम रोख रू. 1000/- + प्रशस्तीपत्रकां

| पयलो दीस - 17 जानेवारी 2020 | | | | |
|---|---|---|---|---|
| मुखेल सभाघरा भायल्या रस्त्याचेर | | नमन (पं आनी शि.सं.) 9.30-10.30 | | |
| मुखेल माची | दुसरी माची (पाय तियात्रिस्त सभाघर) | कॉन्फरन्स हॉल | ब्लॅक बॉक्स | उकतें दालन |
| उत्तावण सुवाळो 10.30-11.30 | | | | |
| लोकमांड (शि.सं.) 11.30-3.00 | नाच नाच नाचुया (पं./शि.सं.) 11.30-4.30 | प्रस्नमाची (चांचणी) 11.30-1.00 | शुटींग परिक्षण (पं./शि.सं.) 11.30-4.00 | |
| प्रस्नमाची (पं./शि.सं.) 3.00-5.00 | | | | |
| दुसरो दीस - 18 जानेवारी 2020 | | | | |
| धीक थै (शि.सं.) 09.30-12.30 | | गीत गायतना (चांचणी) (शि.सं.) 9.30-12.30 | शुटींग सर्तीच्या व्हिडिओंचें प्रसारण 11.00-4.00 | रंगीत खोमीस.(पं /शि सं ) (9.30-11.30) |
| गीत गायतना (शि.सं.) 1.00-3.00 | | खातखुतल्यो (स्टॅण्ड अप कॉमेडी) (पं.) 12.30-2.30 | | फास्की (पं./शि.सं.) (9.30-1.30) |
| मुलाखत 3.00-5.00 | | | | खेळ (रस्तो नाट्य) (पं.) 11.30-4.30 |
| तिसरो दीस - 19 जानेवारी 2020 | | | | |
| लोकमांड (पं.) 9.30-1.00 | थोडें आमचें थोडें तुमचें (शि.सं.) 9.30-1.30 | आयलें तशें गायलें (चांचणी) (पं.) 9.30-1.00 | मुस्तायकी (चांचणी) (पं./शि.सं.) 12.00-3.00 | राटावळी (पं./शि.सं.) 9.30-12.30 |
| पावणी (फास्की / रंगीत खोमीस) 1.00-1.30 | | | | |
| आयलें तशें गायलें (ट्रियो) (पं.) 1.30-3.30 | | | | |
| मुस्तायकी (पं./शि.सं.) 3.30-5.00 | | | | |
| समारोप सुवाळो 5.00-6.00 | | | | |


**कार्यालय**
कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय, कोंकणी भवन, विद्यानगर, मडगांव, गोंय
फोन नं.: 0832–2750585, 7262837442
अध्यक्ष: चेतन आचार्य, फोन नं.: 8830103768
संकेतथळ: www.konkanibhashamandal.com
ई–मेल: gym@konkanibhashamandal.com
konkanibhashamandal.goa@gmail.com